NEHRU BAL PUSTAKALAYA

मोहिनी आनी राकेस

शांता रामेश्वर राव

चित्रकार
प्रणब चक्रवर्ती

ISBN 81-237-1168-9
पयली आवृत्ती 1995 (शक 1916)
© शांता रामेश्वर राव, 1990
रु. 11.00
Mohini and the Demon (*Konkani*)
प्रकाशक : संचालक, नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया
ए-5, ग्रीन पार्क, नवी दिल्ली-110016

नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया

नेहरू बाल पुस्तकालय

मोहिनी आनी राकेस

शांता रामेश्वर राव

चित्रकार

प्रणब चक्रवर्ती

अणकार

कमलादेवी राव देशपांडे



मोहिनी आनी राकेस

गांवचो एकान - एक मनीस भस्मासुराक भियेतालो. भियेना आसलें एकलें मोहिनी. भस्मासूर हो एक राक्रेस रानांत एके धोलींत रावतालो. ताका सुळे कशे दांत आनी काळींच कोयतेकशीं वांकडीं शिंगां आशिल्लीं. ताका येद्दे व्हडले सुपांसारके कान आशिल्ले. ताका तोंडाचेर आनी आंगभर व्हडली दाट-दाट ल्हंव आशिल्ली. भस्मासूर बरो इश्टागतीन चलपी राकेस आशिल्लो जाल्यार हें सगळें आसूनय लोकांक कांय दिसपाचें न्हय. पूण इश्टागतीन वागपाचें सोडाच, तागेलें सगळेंच उरफाटें! लोकांक भेश्टायतना ताका खोशी भोगताली. तो भुकेल्लो आसूं वा नासूं, लोकांक भकपाचेंच तो येवजीत बसतालो.

भस्मासुराकडेन मायावी शक्त आसली. तीच तर तागेली खरेली नड. ताणे कोणाच्याय माथ्यार हात दवल्लो, जाल्यार ताजो मुठभर गोबर जातालो. म्हणटर लोक ताका भियेले जाल्यार अजाप कसलें! तो दिश्टी पडलो रे पडलो, लोक पळ काडटाले आनी ते पळटात तें पळोवन भस्मासूर 'हा, हा, हॉ, हॉ!'

करून हांशाचो गडगडाट कडकडाट करतालो. 'म्हाका लागतलो ह्या संवसारांत कोणच ना.' अशो लाखबडायो तो मारतालो. तो थंग्रच्यान गेलो म्हणपाची खात्री जातकरच लोक लिपिल्ल्या खांची - कोयंड्यांतल्यान थरथरत भायर सरताले. पूण एकलेंच मोहिनी मात ताजी पर्वा करिनासलें. येवजी- येवजीत, कपलाक मिरयो घालीत, तकली हालयत ताणें मनांत म्हणचें, 'म्हाका सामकी खात्री आसा. हातूंतल्यानय, यत्न केलो जाल्यार आमच्यांनी खात्रेन वाट काडूं येता.'

तें रात - दीस येवजीत आसतालें आनी तेवटेन एक - एक दीस वता, तशे - तशे लोक चड आनी चड निराश जायत वताले. 'तूं त्या भस्मासुराक वळखना!' ते मोहिनीक म्हणटाले. 'तो सामको पर्वतावरी खूब पुर्विल्लो! ताका कोणांच्यानच मारूंक जावपाचें ना! कशे मारतले? ताजेकडेन मायावी शक्त आसा. ताणें फकत ताळवेर हात मारल्यार पुरो, तूं खलास! तुजो मूठभर गोबर जाता. तेच पसत लोकांनी ताजे वाटेक वचपाचें लेगीत सोडून दिलां.'

मोहिनीची एक जाण्टेली आजी आशिल्ली. तिगेर तें सदांच वतालें. ताणें एक दीस आज्जेक म्हळें, 'आज्जे, म्हाका त्या भस्मासुराविशीं सांग पळोवया!' आजी म्हणूंक लागली, 'तो, रानांत एके काळखाचे घोलींत रावता आनी येतना - वतना झाडां हुमटयत, शेतां गुड्डयत, गांवांत वयर सकयल करीत आसता. जंय जंय तो वता, थंय थंय तो नासधुस करीत आसता. ताका वीस हतयांचें बळ आसा. गांवचे सगळे लोक भस्मासुराचे मायावे शक्तीक भियेतात.'

'पुण हांव ताका भियेना!' मोहिनीन आज्जेक सांगलें. 'हांव ताका इल्लेंय भियेना!' मोहिनीन गांवकारांकय सांगलें. 'तुवें ताका भियोवचेंच पडटलें.' गांवकारांनी ताणशेवन सांगलें. 'तूं सामकेंच मूर्ख भुरगें आनी तूं किदें उलयता तें तुकाच खबर ना!' पूण भस्मासुराक तोंड दिवपाक आपूण वाट काडटलेंच म्हणपाची मोहिनीक सामकी खात्री आशिल्ली.

'हातूंतल्यान आमकां सुटकाच ना!' रडकुळे परतून लोकांनी म्हळें, 'ताजो तो मायावी हात पृथ्वीचो नाश करतलो.' पूण मोहिनी सामकें हट्टी चली. ताणें आत्मविस्वासान सांगलें, 'तर, तशें जावकच शकना! आमी कशींच वगी रावूंक फावना. हांव तर कशेंच वगी रावपाचें ना! हांव हाजेर उपाय सोदून काडटलेंच!'

गांवचे लोक जर इतले त्रासांत आनी दुख्खांत पडूंक नाशिल्ले, जाल्यार तागेलें हें उलवणें आयकून ते ताका हांसतले आशिल्ले. पूण तांणी चुरचुऱ्यांनी तकली हालयली आनी म्हळें, 'तूं नकळो पुता, तो तुका एकाच घांसाक भकतलो, ना तरी, तुजो मूठभर गोबर करून उडयतलो. हाजेपरस आनीक किदें वायट जावंक शकता!'

'म्हाका दिसना' मोहिनीन म्हळें. ह्या विशयाचेर ताणें कितलीशींच सप्तकां विचार केलो आनी एक दीस तें गांवच्या मुखेल्यासरीं गेलें. वच जाल्यार, गांवच्या चार जाण्टेल्यांक भोंवतीं घेवन तो आपल्या घराचे पडवेर बसला.

मोहिनी ताज्या म्हऱ्यांत गेलें आनी म्हणूं लागलें, 'सायबा, हांव त्या भस्मासुराकडेन वाटाघाटी करूंक सोदतां. म्हाका खात्री आसा हांव किदेंय तरी करूंक शकतलें.'

'किदें! तूं किदें पिसावलां?' ज़ाण्टेले तिडकले. 'मूर्ख खंयचेकडलें. सामकोच अक्लेचो - कांदो!' 'तूं किदें आमची मस्करी करूंक सोदता?' एकल्या जाण्टेल्यान विचारलें.

'ना, सायबा तशें न्हय! हांव हें विचार करूनच उलयतां!' मोहिनीन सांगलें.

'अशें? तशें जाल्यार बरें आसा!' गांवच्या मुखेल्यान म्हळें. 'पूण मोहिनी तूं थंय वचून करतलें तरी किदें?'

'हांव, हांव नाच करतलें' मोहिनीन म्हळें.

'नाच?' चकीत जावन जाण्टेले उसळ्ळे. 'तुका किदें पिशें लागलां?'

'ना तशें न्हय!' मोहिनीन थंडसाणेन जाप दिली. 'सायबा, उपकार जायत, म्हाका एक पांयजणांचो जोड दियात. म्हाका भस्मासुराचे घोलींत वचूंदी!'

सुरवेक गांवचो मुखेली तागेलें कशेंच आयकना जालो. 'उठ! नाका जाल्लींच मूर्खपणां!' ताणें म्हळें. 'हीं सामकींच पिशेपणां! भस्मासूर तुज्या ताळक्यार हात दवरतलो आनी तितल्यांत तुजो अंत जातलो.' पूण मोहिनी एक्कासारकें शरणां येता आनी ताणें सामको निच्छेवच केला, तें पळोवन गांवचो मुखेली हे गजालीक मान्य जालो.

तें चालीक लागलें, तेन्ना तांणी म्हळें, 'बरें आसा तर, पूण मागीर मात म्हणूं नाका आंऽ! आमीं तुका सादूर केलें ना म्हणून!' पूण तांकां हात वावडीत, गुडबाय करीत मोहिनीन सांगलें 'ना ना, हांव तशें म्हणचें ना' तुमी फकत म्हाका यश मेळूं म्हणून मागात.'

मोहिनीन कोसांचे- कोस प्रवास केलो. चडशी वाट तें पांयांनी चलून गेलें, तर केन्ना तें बैला- गाड्यांत बसून आनी गाढवाचे फाटीरय बसून गेलें. तशेंच केन्ना तें होड्यांत बसून तर केन्ना लांकडांच्या होंडक्याचेर बसून न्हंयचेपलतडीय गेलें आनी जंय जंय तें पावलें, थंय थंय लोक भस्मासुराच्या दुश्टपणाविशीं आनी ताजे मायावे शक्तीविशीं कशे उलयतात आनी ताका ते कशे भियेतात, तें ताणें पळेलें.

'तो इतलो बळीश्ट आसा, तूं ताका कांयच करूंक शकचें ना.' लोकांनी ताका सांगलें. 'बरें आसा, हांव यत्न करून पळेतां' मोहिनीन तांकां सांगलें. 'कांयच करीनासतना वग्गी बसून किदेंच सादचेलें ना! अशें न्हय?'

निमाणेकडेन एकदांचें तें रानांत भस्मासुराचे धोलीसरीं पावलें. आनी त्याच खिणाक थंय जळींमळीं हाडां आनी कुसक्या मासाचे कुडके शिंपडल्यात ते पळोवन हीच तागेली धोल आसूंक जाय म्हणपाची ताजी खात्री जाली.

वचचें - वचून मोहिनी धोलीच्या दारांत उबें रावलें आनी जिणेंत पयलेच खेपेक तें सामकें भियेलें. सगळ्या - इतल्याक किण्ण आशिल्लें. झाडाचें एक पान लेगीत हालनाशिल्लें, एक्का शेवण्याचे चिंवचिंवाट न्हय, तर किडी - मुयेचो किरकिर लेगीत आयकूंक येनाशिल्लो.

'आगे म्हजे बाये! आतां किदें जातलें काय! गांवकारांनी सांगिल्लें तें घडये खरेंच जावये! आतां हो राकेस म्हजो मूठभर गोबर करता दिसता. आनी म्हणटर तोच म्हजो शेवट जातासो दिसता. हांवें हांगा येवपाचेंच न्हय...' पूण मोहिनीचें एक मन जरी अशें येवजितालें, तरी तागेलें दुसरें मन ताका म्हणटालें, 'आतां कशेंय जाल्यार तूं हांगा आयिल्लेंच आसा, म्हणटर निदान तुवें तकली भितर घालून भस्मासूर कसो दिसता आनी खरेपणींच ताका शिंगां आसात काय किदें, तें पळोवचें!'



देखून मोहिनी सादुरकायेन ल्हवूऽच फुडें गेलें. तें सामकें धोलीच्या तोंडार वचून, पांयांच्या आखांड्यांचेर आनी बोटांचेर उबें रावून भितर तेळूं लागलें. धोलींत भितर गुप्प काळोख आशिल्लो. ताका कांयच दिसना जालें. तें बरोच वेळ थंय थारलें. पूण ताका राकेसाचें किदेंच चिन्न दिसलें ना.

ताज्या मनांत आयलें, 'किदें विचारता! घडये भस्मासूर नासुयेच! कोणेंय तो रचलाय जावये!' तितल्यान अकस्मात 'गुर्रऽऽऽ वाँऽऽऽ, गुर्रऽऽऽ वाँऽऽऽ' करून व्हडा - व्हडान घुरकणी ताका आयकूंक आयली. आनी त्याच वांगडा एक आकांताळो गडगडाट आनी कडकडाट जालो आनी तो राकेस ताज्या म्हऱ्यांतच फाटल्यान उबो जालो. तो निकतोच हेडत - हेडत एक भोंवडी करून आयिल्लो. 'गुर्रऽऽऽ वाँऽऽऽ, गुर्रऽऽऽ वाँऽऽऽ' तो परतून गर्जेलो! मोहिनी ताका पळेत थंयच उबें रावलें. ताज्यान आनीक किदें करूं येतालें! 'आतां हातूंतल्यान पळवाटच ना!' ताणें येवजिलें 'आतां हांवें ताजेकडेन बरेभशेन उलवणीं केल्लीं बरीं!'

'गुर्रऽऽऽ वाँऽऽऽ!' राकेसाचें परतेंय चालू जालें आनी धरतरी थरथरूं लागली. पूण मोहिनी थंयच आपल्या जाग्यार उबें रावलें.

'कोण तूंऽऽ?' राकेसान गर्जना केली. 'म्हजें नांव मोहिनी' मोहिनीन जाप दिली.

'ईऽऽऽ ऑऽऽ ऑऽऽ ईऽऽऽ ऑऽऽ!'

राकेस आइडलो! 'म्हजे धोलींत येवपाची तुका छाती कशी जाली?'



'जाणां,' मोहिनीन म्हळें 'तूं खुबच देखणो, बळीश्ट आनी विद्वान अशें हांवें आयकलें, देखून तुका पळोवंक म्हणून हांव आ़यलां.'

हें जें ताणें ताका सांगलें, तें खूबच शाणेपण थरलें. कारण हें आयकून भस्मासूर खोश्शी जालो. ताणे येद्दे - व्हडले सुळे दांत भायर काडले आनी ते विचकायत तो भयांकृत हांसूंक लागलो. आपल्याक ताणें देखणो म्हळें, तें ताका खूबच मानवलें.

'हें चली बरेंच देखणें आसा' ताज्या मनांत आयलें. 'तें म्हाका बायल करपाक योग्य अशेंच आसा.' तो ताका माथ्याकडसून पांयांमेरेन आनी पांयांकडसून माथ्यामेरेन पळोवंक लागलो. निमाणें ताणें ताका म्हळें, 'मोहिनी, तूं म्हजेलागीं लगीन जाता ?'

'तुजेलागीं लगीन ?' मोहिनीन म्हळें आनी थोडें थांबून रोखडेंच ताणें म्हळें, 'हय, भस्मासुरा, हांव तुजेलागीं लगीन जावंक तयार आसां !'

खोशीभरीत जावन भस्मासुरान येद्दें-व्हडलें तोंड विचकायलें. आनी सगळे दांत भायर काडून तो हांसूंक लागलो.

'हय, भस्मासुरा हांव तुजेलागीं लगीन जातां' मोहिनीन परतेंय सांगलें आनी रोखडेंच ताणें आपलें तर्जनी बोट ताजे मुखार वावडीत म्हळें, 'पूण फकत एके अटीचेर : पयलीं तुवें म्हजे वांगडा सारकें हांव हातवारे करतां तश्शे करून नाचचें पडटलें. तुजो एक लेगीत हातवारो चुकत, तर हांव तुजेलागीं लगीन जावपाक ना.'

'हॉ! हॉ!' गरड घालीत भस्मासुरान म्हळें, 'इतलेंच मुगो! तातूंत किदें कठीण आसा!' 'बरें आसा तर!' अशें म्हणून मोहिनी नाचूंक लागलें. भस्मासुरान ताका बरें करून पळेलें आनी तोय ताजेवांगडा नाचूंक लागलो.

'हांवें साऽरके ताजेच भशेन हातवारे करूंक जाय' तो आपलेच भितर पुटपुटलो. 'हांवें मात लेगीत चुकूंक फावना.'

मोहिनीन आपले दोळे बिटबिटायले. त्याबराबर भस्मासुरानय आपणाले बिटबिटायले.



मोहिनीन साळकां करपाक आपल्या हातांचे दोणे केले. राकेसानय साळकां करपाक आपल्या हातांचे दोणे केले.

मोहिनी हतयावरी धोंलूक लाग्लें आनी
भस्मासूर आपुणय तस्सो धोलूंक लागलो.

मोहिनीन सवण्यावरी भुर्ऽऽ करून भोंवर मारलो, फाटोफाट भस्मासुरान आपणेंय तसोच मारलो. मोहिनीन आपले खाडकेक हात लायलो, हाणेंय आपले खाडकेक हात लायलो. ताणें आपल्या पांयांच्या आखांड्यांक हात लायलो, हाणेंय आपल्या आखांड्यांक हात लायलो. ताणें गुंनाळ्यो काडल्यो, पिटिक् - पिटिक् करून उडक्यो मारल्यो, उडणां मारलीं, हाणेंय तशोच गुनाळ्यो काडल्यो. उडक्यो मारल्यो आनी उडणां मारलीं.



मोहिनीन आपलो हात आपल्या माथ्यार दवरलो, ताणेंय आपलो हात आपल्या माथ्यार दवरलो आनी त्याच खिणांक भस्मासूर नांच जालो! ज्या जाग्यार तो उ आशिल्लो, त्या जाग्यार फकत एक इल्लीशी गोबराची रास तयार जाली.

'वा रे वा! बेस बरें जालें!' मोहिनीन म्हळें, 'हांव सामकें खोशी. आमी राकेसाच्या तोंडांतल्यान सुटलीं. आतां म्हाका घरा वचूंकच जाय. ना जाल्यार म्हजी आजी म्हाका हुस्केतली.'

ते चड फुडें पावूंकच नाशिल्लें, तितल्यांत चोंपोंसल्यांनी लोकांचे मेळक्यांचे - मेळ ताका मेळूंक आनी ताजें अभिनंदन करूंक येवंक लागले. तांणी ही व्हडा खोशशेची खबर आयकल्ली. गांवच्या मुखेल्यान गांवांत सुटी जाहीर केल्ली. गांवचे सगळे लोक आसत्यांत बरीं, नवीं न्हेसणां न्हेसून भायर सरले. हांसत नाचत तांणी मोहिनीक उबारून खांदार घेतलें. आनी 'मोहिनीचो विजय आसूं! जय मोहिनी! शूर मोहिनी' अशो घोशणा दीत दीत, ताका गांवचें भूशण मानून, माना - भौमानान तागेल्या घरा व्हरून पावयलें.

Printed at The Central Electric Press A-12/1 Naraina Indl. Area, Phase-I, New Delhi-28.

रु. 11.00

नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया